**वायनाडांतल्या पिडेस्तांक मदत सामान घेवन वचपी वाहनाक राज्यपालान बावटो दाखयलो**

ता. 13 ऑगस्ट 2024

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज वायनाडांतल्या पिडेस्तांक मदत सामान घेवन वचपी स्ट्रीट प्रोविडन्स ट्रस्ट-गोंय ह्या बिगर सरकारी संघटनेच्या वाहनाक बावटो दाखयलो.

वायनाडांतली पालसण कोसळपाची दुर्घटना असामान्य आसून केरळातल्या पिडेस्त लोकांक शक्यती मदत करपात येतली. वायनाडांतल्या लोकांक मदत करपाक आमचे सतत प्रयत्न आसतले, अशें राज्यपालान सांगलें.

सुरवातीक पिलार म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य फा. फ्रेड्रिक राड्रिग्स हांणी मदत सामान घेवन वचपी वाहनाक आर्शिवाद दिलो.

राज्यपालाचे सचीव श्री. एम. आर. एम. राव, श्री. बॉस्को जॉर्ज आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/398

--
-------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.